PANAJI REGIONAL

आकाशवाणी पणजी

प्रादेशिक खबरा

9 APRIL 2026 7.20 PM

ह्यो आसात काय मुखेल खबरो

- गोंय, गुजरात ,महाराश्ट्र ही तीन्हुय राज्या देशातली सगळ्यातं चड जीडीपी आशीलली राज्या म्हण वळखतात अशे लोकसभेचे सभापती ओम बिर्ला हांणी म्हणला.
- फोंडेच्या पोटवेंचणुके खातीर आदर्श आचारसंहिता लागल्या उपरांत गोंय विधानसभेचें गिमाळे अधिवेशन रद्द केल्ले ते परतून आपोवपाची मागणी करपी एक पत्र गोवा फॉरवर्डचे अध्यक्ष आनी फातोर्डाचे आमदार विजय सरदेसाय हांणी राज्यपाल पुसापती गजपती राजू हाका धाडला.
- आंतरराष्ट्रीय योग दिस २०२६ च्या निमतान भारत सरकारच्या आयुष मंत्रालयांतर्गत आशिल्ल्या मोरारजी देसाई राष्ट्रीय योग संस्था आनी गोमंतक आयुर्वेद महाविद्यालय वा संशोधन केंद्र , शिरोडा हांच्या जोड पालवान मिरामार दर्या वेळेर आज योग दिसाचा तयारे खातीर खासा कार्यावळ जाली.

CPA RASHMI + dip 300

लोकसभेचे सभापती ओम बिर्ला हांणी सांगलें की, संवसार संसदीय लोकशायीक सर्वोत्तम शासन वेवस्था म्हूण मान्यताय दिता आनी विकसीत भारताचे ध्येय साध्य करपाची व्हड जापसालदारकी तरणाट्या लोक प्रतिनिधींचेर आसा. आयज मिरामार पणजी हांगा आयोजीत कॉमनवेल्थ पार्लमेंटरी असोसिएशन (सीपीए), भारत विभाग, झोन-७ (अस्तंत विभाग) परिशदेचे उक्तावण केले उपरांत ते उलयताले.

गोंय, गुजरात ,महाराश्ट्र ही दर्यादेग लाभिल्ली राज्या. दर्यादेगीखातीर खुबश्या आव्हानांक ह्या राज्यांक तोंण दिवचे पडटा. मात तांणी ह्या आव्हानातल्यान संद तयार केल्या आनी स्वतच्या राज्याची उदरगत केल्या . आयज ही तीन्हुय राज्या देशातली सगळ्यातं चड जीडीपी दिवपी राज्या म्हण वळखतात अशे लोकसभेचे सभापती ओम बिर्ला हांणी म्हणला.

एआय तंत्रज्ञानाचेर उलयतना लोकसभा सभापतीनी सांगलें की, आयज कृत्रिम बुद्धिमत्ता आनी तंत्रज्ञानाचे युग आसा, पुण त्याच वांगडा मानवी संवेदनशीलताय तितकीच म्हत्त्वाची आसा. आपल्या मतदारसंघाची उदरगत करप ही जण एका लोक/प्रतिनिधीची नैतिक जापसालदारकी आसा, उदरगत करतना अंत्योदय, समाज कल्याण करपाक महत्व दिवपाक जाय, राज्याच्या उदरगतीखातीर गावांक सक्षम करप, तशेंच, आधुनिकीकरणाचो उपेग करतना मानवी संवेदनशीलतायेक महत्व दिवन तशेंच जनमत विचारात घेवन गरेजेप्रमाण नवीन धोरणा, कायदे जावपाक आयच्या लोकप्रतिनिदीनी महत्व दिवापक जाय अशे तांणी म्हणला. .

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी वेपार, पर्यटन कॉरिडॉर, शारी साधन सुविधा आनी दर्यादेग वेवस्थापनाक प्रोत्साहन दिवपा खातीर गोंय, महाराष्ट्र आनी गुजरात राज्यान एकवटान काम करपाची गरज व्यक्त केली. मुख्यमंत्र्यांन ह्या वेळार उपस्थित प्रतिनिधींक राज्य सरकाराच्या चाळीस खात्यावतीन लोकांच्या कल्याणा/खातीर आशीलल्या 240 परस चड येवजण्यो आनी सेवांची म्हायती दिली.

‘विकसीत भारता’च्या संकल्पनेचेर उजवाड घालतना मुख्यमंत्र्यान सांगलें, ‘विकसीत भारत दोन हजार सत्तेचाळीसचे उद्दीश्ट साध्य करपा खातीर सरकार योग्य दिकेन पावल मारता. हे उद्दीश्ट साकार करपा खातीर देशभरांतल्यान आनी खास करून तरणाट्यांची शक्त, सर्जनशीलता आनी समर्पण आवश्यक आशिल्ल्याचें सांगलें. Mukhelmantryani फुडें सांगलें की, प्रधानमंत्र्यानी नारी शक्ती, किसान शक्ती आनी गरीब कल्याणाचेर भर दिला, अशें सांगलें.

सुशांत 140

फोंडेच्या पोटवेंचणुके खातीर आदर्श आचारसंहिता लागल्या उपरांत गोंय विधानसभेचें गिमाळे अधिवेशन रद्द केल्ले. ही आचार संहिता आता सोपल्या ते खातीर हे अधिवेशन परतून आपोवपाची मागणी करपी एक पत्र गोवा फॉरवर्डचे अध्यक्ष आनी फातोर्डाचे आमदार विजय सरदेसाय हांणी राज्यपाल पुसापती गजपती राजू हांका धाडला.

आदर्श आचारसंहिता लागू जाल्ल्यान कसलीच चर्चा करिनासतना अर्थसंकल्पाक मान्यताय दिल्ली अशें जरी आसले तरी ह्या अधिवेशनात गोंयचे जमनीची राखण करप, न्हंयांची राखण करप, खाजगी उद्देगांत गोंयकारांक अयशी  टक्के आरक्षण करप सारकिल्ली म्हत्वाची विधेयकां येवपाची आशिल्ली. पूण अधिवेशन स्थगीत जाल्ल्यान ह्यो चर्चा जावंक शकल्यो नात. ह्या आनी हेर कांय म्हत्वाच्या विधेयकांचेर चर्चा करपा खातीर हें अधिवेशन घेवप गरजेचें अशें सरदेसाय हांणी आपल्या पत्रांत म्हळां.

वेंचणूक रद्द जाल्ल्यान आदर्श आचारसंहिताय काडून उडयल्या. देखून आतां परतून हें अधिवेशन घेवपाक हरकत ना. हें अधिवेशन स्थगीत जाल्ल्यान हे आदी आवाज उठोवपी पक्षांनीय परतून हें अधिवेशन जावचें अशी मागणी करची अशें सरदेसाय हांणी मागला.

LAIRAI RASHMI/ganesh   40

शिरगांवचे लयराय जात्रेत जावपी भाविकांची गर्दी लक्षांत घेवन, उत्तर गोंय जिल्हो प्रशासनान सुरक्षेच्या नदरेन खर पावलां उबारल्यांत.उत्तर गोंय जिल्लो आपत्ती वेवस्थापन प्राधिकरणान शिरगांवांतल्या लईराई जात्रा खातीर स्टॉलांचें नियंत्रण आनी मान्यताय दिवपा खातीर उप/समिती नेमल्या. ही समिती जात्रेवीशी प्रस्तावांची चवकशी करप, मान्य केल्ली मांडावळ चालीक लावप आनी अना/धिकृत स्टॉल काडपाक  दीवचल उप जिल्होधिकारी हांच्या फुडारपणा खाला पॅनल स्थापन करपाचे काम पळयतली.

AYUSH SUBHASH   100

आंतरराष्ट्रीय योग दिस २०२६ च्या निमतान भारत सरकारच्या आयुष मंत्रालयांतर्गत आशिल्ल्या मोरारजी देसाई राष्ट्रीय योग संस्था आनी गोमंतक आयुर्वेद महाविद्यालय व संशोधन केंद्र , शिरोडा हांच्या जोड पालवान मिरामार दर्या वेळार आज योग दिसाचा तयारे खातीर खासा कार्यावळ जाली.
ह्या सुवाळ्याक नवी दिल्लीचे आयुर्वेद संचालनालयाचे संचालक वैद्य पी. के. प्रजापती हांची मुखेल उपस्थिती आशिल्ली. तांचे वांगडा गोवा क्रीडा आनी युवा व्यवहार संचालक

डॉ. अजय गावडे, आरोग्य सेवा संचालनालयाच्यो संचालक डॉ. मीनल जोशी, गोवा आयुर्वेद परिषदेच्यो अध्यक्षा डॉ. स्नेहा भागवत आनी गोमंतक आयुर्वेद महाविद्यालयाचे प्रभारी प्राचार्य डॉ. नीलेश पी. कोरडे हाजीर आशिल्ले.

AnnouncemenT 80

प्रसार भारतीन दूरदर्शन केंद्र, पणजी हांगा नैमित्तिक पदां खातिर अर्ज मागयल्यात. इत्सुक उमेदवार ३० एप्रिल २०२६ मेरेन अर्ज करू शकतात. संपादकीय सहाय्यक पदाखातीर वय २५ ते ५० विद्यापीठाची पदवी,पत्रकारितेत डिप्लोमा आणि तीन वर्सांचो पत्रकारितेचो अणभव.वृत्तवाचक पदाखातीर वय 25 ते 50,पदवी, कोकणी भाषेत निपुणता आणि कॅमेऱ्या मुखार सहज संवाद साधता येवपासारके व्यक्तिमत्व आसप गरजेचे. सीजी ऑपरेटर पदावातीर, २१ ते ५० वर्सा आनी संगणक प्रमाणपत्रा सयत १२ वी उत्तीर्ण गरजेचे. वेबसाइट सहाय्यक पदाखातीर पदवी सयत पत्रकारिता वा जनसंवादात डिप्लोमा जाय. पात्र उमेदवारांनी आपलो बायो-डेटा, रंगीत फोटो आनी saksha/nkit कागदपत्रा उपसंचालक (वृत्त), दूरदर्शन केंद्र, आल्टिन्हो, पणजी हांगा दिवची

स्पोर्ट्स 40

गोंय फुटबॉल असोसिएशनाच्या पयले विभाग लीग मॅचींत वागातोर पॅरीश यूथ असोसिएशनान कुंकळ्ळी युनियनाक 3-1 अशा फरकांनी हारायलो. मॅच नावेलीच्या रोझरी चर्चीच्या मैदानाचेर जाली.

Imd

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्ले प्रमाण गोयात कमाल तापमान 34.5 डिग्री celcius नोंद जाला जालयार किमान तापमान  24.4 डिग्री celcius नोंद जाला . फाल्या गोयांत  उष्ण वा  दमट हवामान असतले असो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला.

आता खबरो सोपोवचे पयली परत एक फावट काय मुखेल खबरो

- गोंय, गुजरात ,महाराश्ट्र ही तीन्हुय राज्या देशातली सगळ्यातं चड जीडीपी आशीलली राज्या म्हण वळखतात अशे लोकसभेचे सभापती ओम बिर्ला हांणी म्हणला.
- फोंडेच्या पोटवेंचणुके खातीर आदर्श आचारसंहिता लागल्या उपरांत गोंय विधानसभेचें गिमाळे अधिवेशन रद्द केल्ले ते परतून आपोवपाची मागणी करपी एक पत्र गोवा फॉरवर्डचे अध्यक्ष आनी फातोर्डाचे आमदार विजय सरदेसाय हांणी राज्यपाल पुसापती गजपती राजू हाका धाडला.
- आंतरराष्ट्रीय योग दिस २०२६ च्या निमतान भारत सरकारच्या आयुष मंत्रालयांतर्गत आशिल्ल्या मोरारजी देसाई राष्ट्रीय योग संस्था आनी गोमंतक आयुर्वेद महाविद्यालय वा संशोधन केंद्र , शिरोडा हांच्या जोड पालवान मिरामार दर्या वेळेर आज योग दिसाचा तयारे खातीर खासा कार्यावळ जाली.

आनी इतल्यान ह्यो प्रादेशिक खबरो सोपलयो. आकाशवाणी पणजी केंद्राचे mukhevele प्रादेशिक खबरापत्र तुमका आयकूक मेळतले FALYA सकाळी सात वरा पंचवीस mintancher नमस्कार